गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 11 वर्स 2024**

**08/11/2024 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22-11- 2024 आसा.**

**फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22-11-2024 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

टीप:1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) ऑनलायन

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फाट्यांत फकत निमणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दिस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज  डावलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणें तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडेंच न्हयकारतलें आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो नां.

4) अर्जात उमेदवाराचो ईमेल पत्तो आनी मोबायल क्रमांक चूकनासतना दिवपाक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकातल्यान धाडटलें. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तीत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार त्यो प्रामाणीत मानतलें.**

## I.विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन खातें

उप संचालक (तकनिकी), प्रतिनियुक्तिचेर बदली करून (Deputy Director, (Technical) by transfer on deputation)   ------ 1 पद( अनारक्षीत) (2 रे फावटी)

वेतन श्रेणी -  टप्पो 11

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: केंद्र/राज्य सरकार /केंद्रशासीत प्रदेश प्रशासकीय/ भौशीक क्षेत्रांतले उपक्रम/ म्हामंडळ /स्वायत्त संस्था/वैधानीक संस्था/मान्यताय प्राप्त संस्थे अंतर्गत अधिकृत समान पद धारण करपी.

## II. वस्तूसंग्रहालय संचालनालय

संग्रहालयपाल (संग्रह), प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून ( Curator (Collection) by Transfer on Deputation) .... 1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक:(1) केंद्र/राज्य सरकार / केंद्रशासीत प्रदेश प्रशासना अंतर्गत अधिकृत नियमीत समान पद धारण करपी.

## III. पशू संवर्धन आनी पशू चिकित्सा सेवा संचालनालय

पशू चिकित्सा अधिकारी (Veterinary Officer) ...... 10 पदां (1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर

आरक्षीत, 6 पदां अनुसुचीत जाती खातीर आरक्षीत 3 पदां हेर मागास वर्गियांक खातीर आरक्षीत) (7 वे फावटी)

वेतन श्रेणीः रू. 9,300-34,800+ 4,600/-(पूर्व- सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) पिरायः 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :

आवश्यक – (i) भारतीय पशू चिकित्सा मंडळ अधिनेम, 1984 च्या (1984 केंद्रीय अधिनेम 52) पयल्या आनी दुसऱ्या परिशिश्टांत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त पशू चिकित्सेची पात्रताय आनी गोंय राज्य पशू चिकित्सा मंडळांत नोंदणी केल्ली आसूंक जाय (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– (i) गोरवां विकास वा कुंकडां पालन विकास वा पशू चिकित्सक दवाखानो चलोवपाचो अणभव (ii) मराठीचें गिन्यान.

## IV.भौशीक भलायकी खातें

### A.गोंय वैजकी महाविद्यालय

1. संबंदीत भलायकी विज्ञान शिक्षण क्रमांत ऑप्टोमॅट्रीत (Optometry) सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Allied Health Science Courses in Optometry) ...... 1 पद (अनारक्षीत) (8 वे फावटी)

वेतन श्रेणी:रू.15,600 – 39,100 + 6,600 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान ऑप्टोमॅट्रीत मास्टर्स पदवी (ii) संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– मराठीचें गिन्यान.

2. संबंदीत भलायकी विज्ञान शिक्षण क्रमांत ऑप्टोमॅट्रीत (Optometry) सहयोगी प्राध्यापक (Associate Professor in Allied Health Science Courses in Optometry) ...... 1 पद (अनारक्षीत) (4 थे फावटी)

वेतन श्रेणी:रू.15,600 – 39,100 + 6,600 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान ऑप्टोमॅट्रीत मास्टर्स पदवी/तत्वज्ञानांत पदव्युत्तर (एम.फिल) (ii) सहाय्यक प्राध्यापक /व्याख्यातो म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत पांच वर्सांचो अणभव आसूंक जाय (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय

ऐच्छिक :– विद्यापीठ अनुदान आयोगान मान्यताय दिल्ल्या विद्यापिठांतल्यान ऑप्टोमॅट्रीत डॉक्टर ऑफ फिलोसॉफी (पीएच.डी) पदवी (ii) उच्च गुणवत्तेचें स्वतंत्र प्रकाशन (iii) मराठीचें गिन्यान.

3. वैजकी इमेजींग तंत्रज्ञान संबंदीत भलायकी विज्ञान शिक्षण क्रमांत सहयोगी प्राध्यापक :- (Associate Professor in Allied Health Science Courses in Medical Imaging Technology) ....... 1 पद (अनारक्षीत) (5 वे फावटी)

वेतन श्रेणी:रू.15,600 – 39,100 + 6,600 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वैजकी इमेजींग तंत्रज्ञान /वैजकी इमेजींग तंत्रज्ञानांत मास्टर्स पदवी (ii) सहाय्यक प्राध्यापक /व्याख्यातो म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत पांच वर्सांचो अणभव आसूंक जाय (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– विद्यापीठ अनुदान आयोगान मान्यताय दिल्ल्या विद्यापिठांतल्यान वैजकी इमेजींग तंत्रज्ञानांत डॉक्टर ऑफ फिलोसॉफी (पीएच.डी) पदवी (ii) उच्च गुणवत्तेचें स्वतंत्र प्रकाशन (iii) मराठीचें गिन्यान.

B. <u>भलायकी सेवा संचालनालय</u>

कनिश्ठ विकिरणशास्त्रज्ञ (Junior Radiologist) ….. 1 पद (हेर मागास वर्गींया खातीर आरक्षीत) (4 थे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600 – 39,100 + 5,400(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956(1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) पदविका

धारकांक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 2 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.

## V. श्रम खातें

**ईसीआय येवजणेंत वरिश्ठ अस्तिरोग शल्यचिकित्सक (Orthopaedic Surgeon in ESI Scheme) …. 1 पद (अनारक्षीत) (4 थे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:रू.15,600 – 39,100 + 6,600** (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरेंत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956  च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी. (iii) पदव्युत्तर पदवी मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 3 वर्सां काम केल्लें आसूंक जाय. (iv)कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.

## VI. कारखाने आनी वाफक निरिक्षणालय

**प्रोग्राम अधिकारी(Programme Officer)     ------1 पद ( अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणीः** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान पदवी वा तत्सम (ii) प्रशिक्षण कार्यावळीच्या प्रशासन वेवस्थापनांत पांच वर्सांचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.